## पदव्युत्तर पदवी फिजिओथेरपी अभ्यासक्रम प्रवेश

ता. 28 जानेवारी 2021

२०२०-२१ शिक्षणीक वर्साखातीर गोंय वैजकीय महाविद्यालयातल्या अॅलाइड हेल्थ सायन्स अभ्यासक्रमांतल्या फिजिओथेरपी (मास्टर ऑफ फिजिओथेरपी - एमपीटी) आनी ऑक्युपेशन थेरपी (ऑक्युपेशन थेरपी- एमओटी) मदल्या पदव्युत्तर पदवी प्रवेशाखातीर पात्र उमेदवारांकडल्यान अर्ज मागोवपात आयल्यात. प्रवेश गोंय सरकारन मंजूर केल्ल्या नियमांच्या आदाराचेर जातलो.

उपलब्ध जागांची म्हायती आनी नियम एएचएससी पीजी डिग्री प्रवेश प्रॉस्पेक्टस २०२०-२१ त नमूद केल्ले आसात आनी ते बांबोळीच्या गोंय वैजकीय महाविद्यालयाच्या नोटीस बोर्डार लायिल्ले आसात.

प्रॉस्पेक्टस आनी अर्ज तारीख १ फेब्रुवारी, २०२१ सावन विकपाक उपलब्ध आसतले. अर्ज सुपुर्द करपाची निमणी तारीख 5 फेब्रुवारी, २०२१ आसा, तात्पुरती गुणवत्ता यादी 9 फेब्रुवारी 2021 दिसा प्रदर्शीत करतले. गुणवत्ता यादी ११ फेब्रुवारी २०२१ प्रदर्शीत करतले. समुपदेशन तथा प्रवेशाची पयली फेरी 12 फेब्रुवारी 2021 दिसा जातली. पयली फेरीत निवड जाल्ल्याखातीर 15 फेब्रुवारी 2021 सावन शिक्षणीक सत्र सुरू जातले. समुपदेशन तथा प्रवेशाची दुसरी फेरी 25 फेब्रुवारी 2021 दिसा जातली आनी अभ्यासक्रमात सामील जावपाची निमणी तारीख 1 मार्च 2021 आसा. निमाणी फेरी 11 मार्च 2021 आनी अभ्यासक्रमात सामील जावपाची निमणी तारीख 15 मार्च 2021 आसा.

पदव्युत्तर पदवी फिजिओथेरपी प्रवेश प्रॉस्पेक्टस २०२०-२१ गोंय वैजकीय कॉलेजीच्या शिक्षणीक विभागातल्यान रु.1000/- फारीक करून मेळोवपाक जाता.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/133

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity